28th June 2026

8.40am

मुखेल खबरो

1. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राष्ट्राध्यक्ष डॉ. पॅट्रिक हर्मिनी हांचे कडेन उलोवप करतले. प्रधानमंत्री सेशेल्सच्या राष्ट्रीय सभेंत संबोधन करतले आनी भारतीय समुदायाकडेन लेगीत संवाद सादतले.
2. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळी ११ वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी 'मन की बात' कार्यावळी वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार उक्तायतले.
3. भारतीय नागरिकांनी गरजेची सगळी, प्रवास कागदपत्रा घेवूनच, कैलाश मनसरोवर यात्रेक वचचे, असो सल्लो विदेश वेव्हार मंत्रालयान दिला.
4. व्हॅनेझुएलांत भूंयकांपांत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो, आता 1 हजार 430 चेर पावला.
5. गोयचो १४ वर्सांचो इंटरनॅशनल मास्टर इथन वाझ हाणेन, भारताचो नवो ग्रँडमास्टर म्हणूंक इतिहास घडयलो.

PM Seychelles -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सेशेल्सचे राष्ट्राध्यक्ष डॉ. पॅट्रिक हर्मिनी हांचे कडेन उलोवप करतले. दोनूय फुडारी द्विपक्षीय सहकार्याच्या वेगवेगळ्या विषयांचो नियाळ घेतले आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय प्रस्नांचेर, विचारांचे आदान-प्रदान करतले. आयज प्रधानमंत्री मोदी सेशेल्सच्या राष्ट्रीय सभेंत संबोधन करपाचे आसात आनी भारतीय समुदायाकडेन संवाद सादपाचे आसा. उपरांत, प्रधानमंत्री मोदी रोश कायमान हांगा जावपी, राष्ट्रीय दीस उत्सवांत वांटो घेतले. भारतीय संरक्षण दळाचो एक पंगड, भारतीय नौदलाच्या दोन जहाजा सयत, ह्या उत्सवांत वांटो घेतलो. ही भेट भारत आनी सेशेल्स हांचे मदल्या इश्टागतीची पुष्टी करता आनी सगळ्या क्षेत्रांतल्यान, द्विपक्षीय संबंद वाडोवपा खातीर दोनूय राश्ट्रांची वचनबद्धताय आनीक घटमूट करता.

मन की बात -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज  सकाळीं 11 वरांचेर, आकाशवाणीचेर जावपी 'मन की बात' कार्यावळी वरवीं देश आनी विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 135वो भाग आसतलो. हो कार्यक्रम पुराय ऑल इंडिया रेडीओ आनी दूरदर्शन नेटवर्कांत, तशेंच ए.आय.आर  न्यूज संकेतथळार आनी 'न्यूस ओन एअर' मोबायल ॲपाचेर प्रसारीत जातलो. ते भायर ए.आय.आर न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय (पीएमओ), तशेच  म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचें थेट प्रसारण जातलें. हिंदी प्रसारणा उपरांत प्रादेशिक भाशांनीय ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

कैलाश मनसरोवर -

खाजगी टूर ऑपरेटरांनी आयोजीत केल्ल्या भोंवडेंतल्यान, कैलाश मनसरोवर यात्रेक वचपी भारतीय नागरिकांक, विदेश वेव्हार मंत्रालयान, सूचना जारी केला. चीनाचो गरजेचो प्रवेश परवानो आनी व्हिसा नासतना, कैलाश मानसरोवर यात्रा करतना नेपाळांत अडकून उरिल्ल्या भारतीय नागरिकां कडल्यान, मजती खातीर जायत्यो विनवण्यो आयल्यात, अशें मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. तातूंत म्हणलां, कि गरजेची सगळी प्रवास कागदपत्र मेळचे आदी, नागरिकांक भारतांतल्यान प्रवास सुरू करचो न्हय, असो सल्लो मंत्रालयान दिला.

व्हॅनेझुएलां अर्थक्वेक -

व्हॅनेझुएलांतल्या भूंयकांपांत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो आता 1,हजार 430 चेर पावला. बुधवारा दक्षिण अमेरिकेंतल्या राश्ट्राचो विध्वंस केल्ल्या 7.2 आनी 7.5 तीव्रतायेच्या भूंयकांपांतल्यान लोकांक सोडोवपाचे कार्य सुरु आसा. तांणी हे आंकडे जाहीर केल्यात. कुटुंबांनी उण्यांत उणे 68 हजार 900 लोक बेपत्ता जाल्ल्याची नोंद केल्या.

Vice President MSME –

जगभरात खंयच्याय अर्थव्यवस्थेची ताकद, ही त्या देशातल्या MSME क्षेत्राच्या योगदानार निंबून आसता, अशे नवी दिल्लीत काल 'एमएसएमई दिस २०२६' निमतान आयोजित एका कार्यक्रमात उलयताना, उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हाणी सांगले. ताणी म्हळे की, भारतात एमएसएमई क्षेत्र हे, पयल्या पिळगेतल्या उद्योजकांचे धैर्य आणि उद्योजकीय वृत्तीचे प्रतिनिधित्व करता. उपराष्ट्रपतींनी नमूद केले की, हे क्षेत्र उच्च दर्जाची मानका सातत्यान राखत, देशाच्या एकूण निर्यातीत सुमार ५० टक्के योगदान दिता.

दिल्ली कोचिंग -

सुरक्षेच्या नेमांक पाळो दिवंक नाशिल्ल्या, कोचिंग केंद्रांक आतां दिल्लींत काम करपाक मेळचें ना, अशी शिटकावणी दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता हीणे दिल्या. व्हिडियो संदेशांत मुख्यमंत्री गुप्ता हीणे सांगलें, दिल्ली सरकार बेगीनूच खर देखरेख, जापसालदारकी आनी विद्यार्थ्यांच्या सुरक्षेचेर नदर दवरपाक, घटमूट नियामक कायदो लागू करतलें.

भलायकी राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल -

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी सांगलां, की फाटल्या 12 वर्सांत भारतान भलायकी जतनायेत म्हत्वाची प्रगती केल्या आनी दरेका नागरिकाक सुलभ, परवडपी आनी दर्जेदार भलायकी सेवा सुनिश्चीत करपाखातीर सरकार वावुरता. खाजगी मिडिया चॅनलाच्या कार्यावळीत उलयतना, मंत्री पटेल हांणी आयुष्मान भारत प्रधानमंत्री जन आरोग्य येवजण ही संवसारांतली एक व्हडली भलायकी कार्यावळ आसा, जी सुमार 62 कोटी कुटुंबांक अर्थीक संरक्षण सयत, उपचार मेळोवपाक मदत करता, अशें सांगलें.

मंत्री शाह भारत टॅक्सी -

केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी घोषणा केली की, देशातले पयले सहकारी तत्त्वार चलपी 'राईड-हेलिंग' (टॅक्सी सेवा) प्लॅटफॉर्म आशिल्या 'भारत टॅक्सी' चो विस्तार, मुखावेल्या दोन वर्षांत देशभरातली ५०० शारां आणि नगरांनी करतले. 'भारत टॅक्सी'चे उद्दिष्ट चालकांक – ज्याका 'सारथी' अशे म्हणतात तांका – थेट भागधारक करून, एक न्याय्य आणि पारदर्शक येरादारी सेवा माची उपलब्ध करून

दिवप हे आसा, असे मंत्री शाह हाणी सांगले. या मॉडेलान चालकांक त्यांच्या कमाईतलो व्हड वाटो मेळटलो आणि प्रवाशांक परवडपी सेवांचो लाभ मेळतलो. सध्याच्या ॲप-आधारित टॅक्सी सेवा कंपन्यांर ताणी टीका केली. दर रचने बाबतच्या अहवालांचो संदर्भ दितना, मंत्री शाह हाणी म्हणाले की, काय प्रस्थापित प्लॅटफॉर्म्स सध्या या उपक्रमाचो फुडो करपाक नुकसाणेत काम करतात. मात 'भारत टॅक्सी' एक भक्कम पर्याय म्हणून उदेतलो, असो विश्वास मंत्री शहा हाणी उक्तायलो.

या वेळार प्रवासी आणि चालकां खातीर सेवा सुधारपाच्या तसेच येरादारी व्यवस्थांचे एकत्रीकरण, अधिक बळकट करपाच्या उद्देशान 'भारत टॅक्सी'न गुजरात मेट्रो रेल कॉर्पोरेशन, अहमदाबाद महानगरपालिका, गुजरात राज्य सहकारी बँक, राज्य येरादारी पोलीस, तसेच प्रमुख विमानतळ आणि रेल्वे प्राधिकरणांसयत खुपशा संस्थांकडे समजीकायेची कबलात केली.

इथन वाझ -

बोस्निया आनी हर्झ-गोव्हिना हांगा जाल्ले साराजेवो, जीएम मिक्स सर्तींत तिसरो आनी निमाणो ग्रॅण्डमास्टर नॉर्म मेळोवन, गोंयचो 14 वर्सां पिरायेचो आंतरराष्ट्रीय मास्टर इथन वाझ, भारताचो 96वो बुध्दिबळ ग्रॅण्डमास्टर जालो. ह्या यशा वरवीं तो भारताचो सगळ्यांत तरनाटो ग्रँडमास्टर आनी जगांतलो दुसऱ्या क्रमांकाचो सगळ्यांत तरनाटो ग्रँडमास्टर थारलो. इथनान गेल्या कांय म्हयन्यांत, उल्लेखनीय यश मेळयलां. मे २०२६त जाल्ल्या कॉमनवेल्थ बुद्धीबळ अजिंक्यपद स्पर्धेंत, ताणें भारताखातीर तीन पदकां जिकलीं.  एप्रिल २०२६ सात राष्ट्रीय उक्त्या अजिंक्यपद सर्तींत रुप्या पदक जिकून, ताणें २०२६ च्या जागतिक आनी आशियाई युवा बुद्धीबळ सर्तींत भाग घेवपाची पात्रताय मेळयली. ताचे भायर, राष्ट्रीय ज्युनियर अजिंक्यपद स्पर्धा जिकपी, गोयचो पयलो खेळगडो म्हणूंनय, इथनान इतिहास रचलो. इथन वाझाच्या ह्या उल्लेखनीय यशान, गोवा आनी भारताची मान उंचायला, जाल्यार ताच्या रूपान भारतीय बुद्धीबळाक, एक नवो तरनाटो ग्रँडमास्टर मेळ्ळो.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम वाठारांत एकसुरे सुवातेर, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन रेड अलर्ट जारी केला. तशेंच फुडल्या दोन दिसांत बिहार, छत्तीसगढ, कर्नाटक, कोंकण, गोंय, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगणा, विदर्भा, लक्षद्वीप वाठारांत व्हडा प्रमाणांत पावस पडटलो, असो अदमास उक्तायला. फुडल्या दोन ते तीन दिसांत गुजरात, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, झारखंड, बिहारांतल्या आनीक कांय वाठारांनी, नैऋत्य मान्सून आनीक फुडें सरपाखातीर परिस्थिती अनुकूल आसा. मजगतीं, आयज दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ आनी बिहारात उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीन सांगलां.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज राष्ट्राध्यक्ष डॉ. पॅट्रिक हर्मिनी हांचे कडेन उलोवप करतले. प्रधानमंत्री सेशेल्सच्या राष्ट्रीय सभेंत संबोधन करतले आनी भारतीय समुदायाकडेन लेगीत संवाद सादतले.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळी ११ वरांचेर आकाशवाणीचेर जावपी ‘मन की बात’ कार्यावळी वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन आपले विचार उक्तायतले.

- भारतीय नागरिकांनी गरजेची सगळी, प्रवास कागदपत्रा घेवूनच, कैलाश मनसरोवर यात्रेक वचचे, असो सल्लो विदेश वेव्हार मंत्रालयान दिला.

- व्हॅनेझुएलांत भूंयकांपांत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो, आता 1 हजार 430 चेर पावला.

- गोयचो १४ वर्सांचो इंटरनॅशनल मास्टर इथन वाझ हाणेन, भारताचो नवो ग्रँडमास्टर म्हणूंक इतिहास घडयलो.

इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!